# <u>गोठो सजावट सर्तीचो निकाल</u>

ता. 03 जानेवारी 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमतान संस्थां/पंगड आनी वैयक्तीक/घरगुती अशा दोन गटांखातीर आयोजीत केल्ल्या राज्य पावंड्यावयल्या गोठो सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला. गोंयांत गोठो सजावटीची परंपरा तिगोवन दवरपा खातीर दर वर्सा खात्यावतीन अशी सर्त आयोजीत करपात येता. ह्या वर्सा सर्तीत संस्थां/पंगड गटात 28 आनी वैयक्तीक/घरगुती गटात 44 जाणांनी वाटो घेतिल्लो.

ज्युलियो डिसौजा, स्वप्नेश वायंगणकर आनी श्रीमती सोनिया रॉड्रिग्स साबरवाल हांणी सर्तीचे परिक्षण केले.

संस्थां/पंगड गटात सर्तीचे पयले 35,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र होली क्रॉस मळार बॉयस, कुमयेभाट, वेळ्ळी साश्ट, दुसरे 30,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र क्रियेटिव्ह बॉयस, वाडी मेरशी, तिसवाडी, तिसरे 25,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र फ्रान्सिस डिसौजा आनी पंगड, मार्णा शिवोली, बार्देस, चौथे 20,000/- रूपया आनी प्रशस्तीपत्र होलीस्पिरीट पॅरिश युथ, मडगांव आनी पाचवें 15,000/- रूपयांचे आनी प्रशस्तीपत्र सेंट एनी चर्च, आगोंद काणकोण हांका फावो जाला.

उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 10,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र शायनिंग स्टार, दुळापे वेर्णा, साश्ट, जोन 9, सार्जोरा चिंचिणी , साश्ट, अवर लेडी ऑफ होप चर्च, कांदोळी बार्देस, सेंट पिटर पॅरिश, बायंगिणी ओल्ड गोवा, तिसवाडी आनी तळपा खुरीस बॉयस, दिकारपाल साश्ट हांका फावो जाला.

वैयक्तीक/घरगुती गटात पयले 20,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र आलेक्स सिल्वेरा, काराय शिरोडा, दुसरे 15,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र मिलेस रिबेंरो, कांपाल पणजी, तिसरे 12,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र मारियानो रॉड्रीग्स, मुरमुसे तुयें पेडणे, चौथे 10,000/- रूपया फ्रेड्रिक कॅलिस्टो ओजनम, पोर्तायस पणजी, आनी पाचवे 8,000/- रूपयांचे इनाम शोविन अरॉन नोरोन्हा, विद्यानगर, मडगांव साश्ट हांका फावो जाला.

उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 5,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र अमरॉय एड्र्यु व्हिएगस, ताळगांव, फिलिप मोन्तेरो, टोंक करंजाळे, डॅरिक डायस, गाठामरड नावेली साश्ट, रिचर्ड सी काल्देरा, आल्त सांताकृज फोंडा, साबिनो रॉड्रिग्स पार्से- पेडणे हांका फावो जाला. सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटोवपाची तारीख उपरांत कळीत करतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/11

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.



Institution/Group Category
First Prize: Holly Cross Mollar Boys, Cumbeabhat, Velim, Salcete – Goa.




Individual/ Household Category
Second Prize: Mr. Myles Ribeiro, Campal, Panaji – Goa.




Individual/ Household Category
Third Prize: Mr. Mariano Rodrigues, Murmuse, Tuem, Pernem – Goa.



Institution/Group Category
Third Prize: Mr. Francis D'souza & Group, Marna, Siolim, Bardez - Goa.